ईडीसी कडल्यान सरकाराक 12.80 कोटी

ता. 12 एप्रिल 2022

ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद शेट तानावडे आनी वेवस्थापकीय संचालक श्री. के. व्ही. बाळ्ळीकर हांणी आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचेकडेन 12.80 कोटी रूपयां रक्कमेचो धनादेश सुपूर्द केलो. संचालक संतोष केंकरे, डॉ. पुरूषोत्तम पेडणेकर, श्रीमती ललिता कुरैया आफोन्सो, शिवप्रसाद मणेरकर, जोड वेवस्थापकीय संचालक बी. एस. पै आंगले, सीजीएम बी. एस. बोरकर, जीएम आर. जी पठाण, डीजीएम जॉन डिसौझा ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले. वेगवेगळी सरकारी खातीं आनी हेर यंत्रणांनी फारीक केल्ल्या जमीन संपादन रक्कमेवयल्या कळंतराची ही  रक्कम आसा.

2020-21 च्या अर्थीक वर्सा म्हामंडळान 82.28 कोटीचो वेव्हार केला आनी 73.92 कोटी फायदो मेळयलो. म्हामंडळान ह्या काळांत 42.31 कोटी मंजूर केले आनी वेगवेगळ्या क्षेत्रांत 50.52 कोटीचे वितरण केले. ह्या काळांत म्हामंडळान 237.81 कोटीची वसूली केली आनी 685.61 कोटीचे रीण दिल्ले आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/255

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji